8th October 2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, नवी दिल्लीच्या यशोभूमी हांगा, इंडिया मोबायल काँग्रेसीच्या १०वे आवृत्तीचें उक्तावण करतले.

- केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या अध्यक्षतेखाला, GST काउन्सिलाची 57वी बसका आयज नवी दिल्लींत जातली.

- ज्येष्ठ अभिनेते नाना पाटेकर पिरायेच्या 75व्या वर्सा संवसाराक अंतरले.

- टेबल टेनिसांत, भारतीय खेळगडे मानुष शाह आणि दिया चितळे हांणी इतिहास रचला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

PM इंडिया मोबायल

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीच्या यशोभूमी हांगा, इंडिया मोबायल काँग्रेसीच्या १०वे आवृत्तीचें उक्तावण करतले. दूरसंचार, डिजिटल जोडणी आनी तंत्रीक नवनिर्माणाच्या मळार, भारताची उल्लेखनीय प्रगती ह्या कार्यावळींत मांडतले आनी सहकार, गुंतवणूक आनी गिन्यानाच्या आदान-प्रदानाक जागतीक माची उपलब्ध करून दितले. आय.एम.सी 2026चो विशय ‘स्केल विदाउट बॉन्डरीज’ आसा, जो डिजिटल नवनिर्माण, फुडले पिळगेची जोडणी आनी तंत्रज्ञान सक्षम उदरगतींत भारताची वाडती क्षमता दाखयता. काल सुरू जाल्ली ही चार दिसांची कार्यावळ, दूरसंचार खातें आनी सेलुलर ऑपरेटर्स असोसिएशन ऑफ इंडिया हांणी संयुक्तपणान आयोजीत केल्या.

Sitharaman GST

GST काउन्सिलाची 57वी बसका, आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपम हांगा जातली. केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या अध्यक्षतेखाला जावपी बसकेंत, जीएसटी संबंदीत वाद सोडोवप आनी अनुपालनाचो वेळ तशेच खर्च उणो करपाच्या हेतान ‘input tax credit’ प्रक्रिया सोपी करप, अशा धोरणात्मक सुदारणां विशीं चर्चा जातली. अर्थ मंत्रालयांतल्या सुत्रांनी दिल्ले

म्हायती प्रमाण, सरकार जीएसटी वेवस्थेंत फुडल्या टप्प्यांतल्या सुदारणां खातीर पाच-सूत्री योजना मांडतलें. जीएसटी वेवस्थेंतल्या सद्याच्या जायत्या प्रशासकीय अडचणींचे सुलभीकरण आनी स्वयंचलीकरण करप तशेच लघु उद्योगांवेलो अनुपालनाचो भार उणो करप, हो ह्या सुदारणांचो हेत आसा.

## नाना पाटेकर

ज्येष्ठ अभिनेते आनी चित्रपट निर्माते नाना पाटेकर हांका आयज ब्रेस्तारा, पिरायेच्या 75व्या वर्सा, काळजाच्या आताकान गोंयांत मरण आयलें. प्रसार माध्यमांनी उल्लेख केल्ल्या, हॉस्पिटलाच्या सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण, पाटेकर तांच्या गोंयच्या निवासस्थानार, बेशुध्द अवस्थेत आशिल्ले. तांका सकाळीं 5 जावन 20 मिनिटाचेर, खाजगी हॉस्पिटलांत व्हेले, थंय तांका मरण आयिल्ल्याचें जाहीर केलें. पुराय नाव विश्वनाथ पाटेकर हें ‘प्रहार’, ‘परिंदा’, ‘क्रांतिवीर’, ‘अग्निसाक्षी’ आनी ‘अपहरण’ अशा गाजिल्ल्या चित्रपटांतल्या अभिनयाखातीर, भारतीय चित्रपटसृष्टींत मानाचें स्थान मेळयिल्ले कलाकार आशिल्ले. ताका 2013 वर्सा, पद्मश्रीन भौमानीत केल्ले. तांच्या निमणे संस्कारा विशीं, आनीक तपशील आजून मेळूक ना.

## PM On Viksit Bharat

दूरदृष्टीचे धोरण दवरून आनी कश्ट करून, भारत 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्र जावपाचें सपन पुराय करतलो, असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्यक्त केला. काल नवी दिल्लींत जाल्ले ‘विकसीत भारत संकल्प सभे’क संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी मुखार सांगलें, कि

## PM सायकल यात्रा

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 17 सप्टेंबराक, वाडदिसाच्या निमतान सुरू जाल्ली ‘सेवा संकल्प सायकल यात्रा’ काल येसस्वीपणान सोंपली. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांच्या हाजिरेंत, गुजरातांतल्या वडनगर ते काशी ह्या मार्गाचेर आयोजीत केल्ल्या ‘सेवा संकल्प सायकल यात्रा’च्या निमाण्या सुवाळ्यांत उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी उलोव्प केलें. ह्या वेळार योगी आदित्यनाथ हाणी फाटल्या 12 वर्सांत, काशींत आनी फाटल्या 10 वर्सांत उत्तर प्रदेशांत जाल्ल्या बदलांचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री मोदी हांका भौशीक जिणेंत, 25 वर्सांचो यशस्वी कार्यकाळ पुराय केल्ल्या खातीर, राज्यांतल्या लोकांवतीन परबीं दिली.

## Air Force Day

आयज ९४वो भारतीय वायुसेना दीस मनयतात. अंदूंच्या उत्सवाची संकल्पना ‘भारतीय वायुसेना - अचूक, अभेद्य आनी नेमकी' अशी आसा. वायुसेना दिसाच्या आदल्या दिसा, आकाशवाणीचेर दिल्ले संदेशांत, वायुसेना मुखेली मार्शल अमरप्रीत सिंग हांणी सांगलें, कि भारतीय वायुसेना सतर्कता आणि दृढ निष्ठेन, देशाचे रक्षण करपाक सदांच तयार आसा. लडायेची तयारी व्यतिरिक्त संकश्टाच्या काळांत, देश आणि मानवतेची सेवा करपाखातीर भारतीय वायुसेना सदांच मुखार सरता, अशें ताणी सांगलें.

## सेवा संकल्प अभियान कामगार संहिता

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात. हो प्रवास जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा, या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन विकसित भारत हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आयज आमच्या खाशेल्या माळेंत आमी ‘कामगार संहिता २०२५' हे वरवीं ही नदर कशी कृतींत रुपांतरीत जाली, हाची एक देख सादर करतात. फाटल्या ७० वर्सांत, २९ वेगवेगळे कामगार कायदे अस्तित्वात आसले आनी दरेकाची स्वतंत्र नोंदणी, विवरण-पत्रा (returns), निरीक्षक आनी वेगळे अर्थ, अशी कामगार कायद्यांची एकूण स्थिती आशिल्ली. ताकालागून, ह्या सगळ्या कायद्यांचे पुरायपणान पालन करपी नियोक्त्याकडेन, हेर कसल्याच गजालींक वेळ नाशिल्लो. २१ नोव्हेंबर २०२५ सावन, चार नव्यो कामगार संहिता लागू जाल्यो आनी जुन्या आडमेळीच्या रचनेची सुवात, एक चौकटी आनी कागदपत्रांन घेतली. सोपी सरळ प्रक्रिया, ही ल्हान कंपन्यांखातीर भौव महत्त्वाची थारता. ह्या संहितांक लागून, कामगारांच्या संरक्षणाचो आंवाठ लेगीत वाडला. किमान वेतन हो दरेका कामगाराचो कायदेशीर हक्क जालो, तसेच 'गिग' आणि 'प्लॅटफॉर्म' कामगारांक पयलेच खेपे सामाजिक सुरक्षेच्या कक्षेत हाडले. या संरक्षण कक्षेत येवपी कामगारांचे प्रमाण, २०१५ वर्सा आशिल्ल्या १९ टक्क्यांवयल्यान वाडून, आता २०२५ वर्सा ६४ टक्क्यांपरस चड जाला.

## संवसारीक बाजारपेठ

भारत, अमेरिका आनी हेर 13 अर्थवेवस्थांनी, संयुक्त मंत्रालयीन निवेदनांचेर सय करून, संवसारीक बाजारपेठांमदि विकृती तयार करपी बाजारपेठ विरोधी धोरणांचेर आळाबंदाहाडपाचे आनी उत्पादनांतल्या, संरचनात्मक अतिरिक्त क्षमतेचेर उपाय काडपाच्यो उपाय येवजण्यो आंखल्या. 30 सप्टेंबर आनी 1 ऑक्टोबर 2026 दिसा, विस्कॉ-न्सिनांतल्या मिल-वॉकी हांगा जी-20 वेपार मंत्र्यांमदीं चर्चा जाले उपरांत, अमेरिकेच्या वेपार प्रतिनिधीच्या कार्यालयान काल रातीं, सहभागी 15 अर्थवेवस्थांनी सय केल्लें, संयुक्त मंत्रालयीन निवेदन जारी केलां.

Amit Shah PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सरकाराचे मुखेली म्हूण, 25 वर्सां पुराय केल्ल्यात. प्रधानमंत्री मोदी ७ ऑक्टोबर २००१ दिसा, गुजराताचे मुख्यमंत्री जाल्ले, उपरांत २०१४ वर्सा तें देशाचें प्रधानमंत्री जाले. सरकाराचे मुखेली म्हूण तांणी 25 वर्सां पुराय केल्या. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या नेतृत्वाविशी उलयताना, केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें, कि

टेनिस

टेबल टेनिसांत भारतीय खेळगडे मानुष शाह आणि दिया चितळे हांणी इतिहास रचला. बीजिंगांत चालू आशिल्ले चायना स्मॅश सर्तींत, रोमानियेचो एड-वर्ड लो-नेस्कू आनी बर्नाडेट सॉक्स हांकां 3 आड 0 अशे हरावून, डब्ल्यू.टी.टी ग्रॅण्ड स्मॅशांत, उपांत्य फेरयेंत पावपी हि पयली, भारतीय मिश्र दोट्टी जोडी थारली.

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकाल, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाचो अदमास उच्चायला. छत्तीसगड, हिमाचल प्रदेश, ओडिशा आनी पंजाबांत फुडले दोन ते तीन दीस, वीज आनी वारें मारून पावस पडू येता. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, आयज आंध्र प्रदेश, बिहार, जम्मू, काश्मीर आनी झारखंडात वीज आनी वादळी वारें संयत, गडगड मारपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज, नवी दिल्लीच्या यशोभूमी हांगा, इंडिया मोबायल काँग्रेसीच्या १०वे आवृत्तीचें उक्तावण करतले.

- केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांच्या अध्यक्षतेखाला, GST काउन्सिलाची 57वी बसका आयज नवी दिल्लींत जातली.

- ज्येष्ठ अभिनेते नाना पाटेकर पिरायेच्या 75व्या वर्सा संवसाराक अंतरले.

- टेबल टेनिसांत भारतीय खेळगडे मानुष शाह आणि दिया चितळे हांणी इतिहास रचला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत एकसुरे सुवातेर, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या  प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले,  आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!